**मुख्यमंत्र्यांच्या हस्तुकीं “रक्षक” ह्या रक्षणकर्तो मोहिमेचे उक्तावण**

ता. 29 सप्टेंबर 2022

मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी आयज गोंयच्या मणिपाल हॉस्पिटलान संवसारीक काळजा दिसानिमतान आयोजीत कार्यक्रमात मणिपाल हॉस्पिटलान वैजकीय आपत्कालीन परिस्थितीक तोंड दिवपाखातीर आनी गोंयांतल्या रहिवाशांक मूलभूत जीणे आदार उपचारांची शिकवण दिवन आपत्कालीन परिस्थितीत प्रतिसाद दिवपाक सक्षम करपाखातीर सुरू केल्ल्या “रक्षक” ह्या नवीन मोहिमेचो शुभारंभ केलो.

ह्या उपक्रमाविशीं उलयताना मुख्यमंत्र्यान म्हणलें, जेन्ना आपत्कालीन परिस्थितीचो विचार करतात, तेन्ना जी यंत्रणां अपघात स्थळार वेळार पावतात ती यंत्रणां मनशाचो जीव वाचोवपाक महत्त्वाची आसता आनी त्या खातीर हो उपक्रम काळजाआतांक, अपघात आनी हेर अशां जीणेच्या दृश्टीन आपत्कालीन परिस्थितीक फुडो करपा खातीर लोकांक उपेगी थारतलो. जर आपल्याक सुरूवातीचे उपचार कशें करप हाचे ज्ञान आसत जाल्यार आमी अपघातात जाल्ल्या मनशाचो जीव वाचोवपाक शकतले, अशें तांणी म्हणलें.

असो उपक्रम सुरू केल्ले खातीर मणिपाल हॉस्पिटलाच्या टीमीचे अभिनंदन करून मुख्यमंत्र्यान म्हणालें, अनेक लोकांक रक्तदाब, डायबेटीज आनी काळजा दुयेंसासंबंदीत हेर समस्या आसतात, पुण लोक अशां समस्यांकडेन दुर्लक्ष करतात. 30 वर्सां पिराये उपरांत आपल्या भलायकेची नेमान तपासणी करप आवश्यक आसा. तशेंच निरोगी जीणेखातीर पुश्टीक आहार घेवपा वांगडाच नेमान व्यायाम करपाक जाय, अशें तांणी सांगलें.

गोंय हे ल्हान राज्य आशिल्ल्यान चडातचड लोकांक रक्षक प्रशिक्षण दिवप सोपे जातले, अशें सांगून तांणी प्रत्येक विभागात एक मास्टर ट्रेनर आसपाची गरज उक्तायली जेणे करून जो आपले ज्ञान वाडोवपाक शकतलो आनी हेर कर्मचाऱ्यांक प्रशिक्षण दिवपाक पुरायपणान प्रशिक्षित जातलो, अशें सांगलें. गोंयांत दरदिसा

लागीलागी 150 आपत्कालीन घडणूको घडटात. जर आमी कमीत कमी 70 हजार लोकांक प्रशिक्षण दिवपाक यशस्वी जाले जाल्यारच आमी किमान 100 प्रकरणां हाताळपाक शकतले, अशें तांणी सांगलें.

ह्या वेळार गोंय पुलीस, येरादारी विभाग, कदंब येरादारी महामंडळ, जीएचआरडीसी आनी उजो पालोवपी दळाच्या कर्मचाऱ्यांखातीर आयोजीत पयल्या प्रशिक्षण सत्राचेय तांणी उक्तावण केले. भौशीक तशेंच खाजगी क्षेत्रातल्या लोकांक जीण वाचोवपाचे प्रशिक्षण आनी कुशळटाय दिवप, हो रक्षक मोहिमेचो उद्‌देश आसा.

सांताकृजचे आमदार श्री. रूडॉल्फ लुईस फर्नांडिस, उजो पालोवपी दळाचे संचालक श्री नितीन रायकर, कुशळटाय विकास आनी उद्‌देजकताय संचालनालयाचे संचालक श्री. दीपक देसाय, डॉ.शेखर साळकर आनी हेर मानेस्त ह्या वेळार उपस्थित आशिल्लें.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2022/587

--

Issued by Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity
3rd Floor, Udyog Bhavan,
Near Azad Maidan, Panaji